आकाशवाणी पणजी

01/12/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज बीएसएफच्या स्थपणूक दिसा निमतान शिमे सुरक्षा दळाच्या सगल्या कर्मचाऱ्यांक परबी दिल्यात . बीएसएफ हें भारताच्या अढळ संकल्पाचें आनी वेवसायीकपणाचे प्रतीक आसा अशे तणी .
सोशल मिडिया पोस्टांवरवी म्हळा

भारत फकत अर्थीक स्वातंत्र्याच्या मार्गाचेर न्हय तर संवसारीक मळार आपली अर्थीक भुमिका वाडोवपाच्या दिकेन मुखार वता अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हटला . नवी दिल्लींत फुटवेअर डिझायन अँड डेव्हलपमेंट इन्स्टिट्यूट (एफडीडीआय) च्या दीक्षांत सुवाळयांत त्यो उलयताल्यो .

फुडल्या पिळगेतले कुशळ तरणाटे विकसीत भारत 2047 चें सपन पुराय करतले अशें तांणी मुखार सांगलें.

संसदेचें शिंयाळे अधिवेशन फकत एक औपचारिकताय न्हय य तर भारताचे उदरगतीखातीर उत्प्रेरक आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. संसदेच्या शिंयाळया अधिवेशनाच्या आदीं प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना ताणी सांगलें,

शिंयाळी अधिवेशन आयज सुरू जालें आनी पयल्याच दिसा मतदार वळेरीत खाशेल्या सुदारणा सयत वेगवेगळया विशयांचेर विरोधकांनी केल्ल्या बोवाळक लागून लोकसभेचे कामकाज पयली दनपारां 2:00 मेरेन उपरांत दिसा खातीर स्थगीत केले . आयज लोकसभेची कार्यवाही सुरू जाली तेन्ना लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी सेगेस्ट अभिनेता धर्मेंद्र, निवृत्त कर्नल सोनाराम चौधरी, प्राध्यापक विजय कुमार मल्होत्रा आनी रवी नायक हांकां आर्गा ओपली . उपरांत सभाघराची कार्यवाही परतून सुरू जाली तेन्ना अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी मणिपूर माल आनी सेवा कर दुरुस्ती विधेयक, केंद्रीय अबकारी कर दुरुस्ती विधेयक, भलायकी सुरक्षा आनी राष्ट्रीय सुरक्षा सेस विधेयक सभाघरांत मांडलें. मणिपूर माल आनी सेवा कर दुरुस्ती विधेयक लोकसभेंत आवाज

मतदानान संमत जालें. जाल्यार राज्यसभेंत आयज राष्ट्रीय परिशदेचे गुरविंदर सिंग ओबेरॉय, चौधरी मोहम्मद रमजान आनी सज्जद अहमद किचलू हांणी वरिष्ठ सभाघराचे वांगडी म्हूण सोपूत घेतलो.

केन-बेतवा न्हंय इंटरलिंकिंग हो म्हत्वाचो राष्ट्रीय बहुउद्देशीय प्रकल्प आसा अशें केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी म्हळा.ह्या प्रकल्पावरवी 10 लाख 62 हजार हेक्टर वाठारांत शिंपणावळ जातली तशेच 62 लाख लोकसंख्येक पिवपाच्या उदकाची पुरवण जातली . ह्या प्रकल्पा खाला  103 मेगावॅट जलविद्युत प्रकल्प बांदतले, जाचो लाव मध्य प्रदेशांतल्या 10 जिल्ह्यांक आनी उत्तर प्रदेशांतल्या 4 जिल्ह्यांक जातलो अशे  लोकसभेंत पूरक प्रस्नांक जाप दितना ताणी सांगलें.

विदेश व्हे वार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी जैव सुरक्षा आनी जैव शस्त्रां कबलात बीडब्ल्यूसीक घटमूट करपा खातीर बेगोबेग संवसारीक सुदारणांचो उलो मारलो . जैविक शस्त्रां कबलातीची 50 वर्सां: जागतीक दक्षिणखातीर जैव सुरक्षा घटमूट करप ह्या विशयाचेर नवी दिल्लींत जाल्या परिशदेंत ताणी उलोवप केलें.

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जेपी  नड्डा हांणी आयज संवसारीक एड्स दिसा निमतान एच.आय.वी आनी एड्स विशीं चड जागृताय करपाच्या  गरजेचेर भर दिलो. एच.आय.वी. बादित लोकांवांगडा एकचारान उबो रावपाची संद तशेंच ताच्या प्रसारा विशीं आशिल्लीं मिथकां आनी गैरसमज पयस करपाची संद म्हणून म्हणून हो दीस मयनतात अशें तांणी सांगलें.

दितवाह चक्रीवादळ दुबळें जावन उण्या दाबाच्या पट्ट्यात रुपांतरीत जाता हाका लागून आयज तामिळनाडू, पुद्दुचेरी, कराईकल आणि तेलंगणात चड पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.माज्गती हिमाचल प्रदेशात दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला फुडल्या दोन दिसांत पंजाब, मध्य महाराष्ट्रआनी मराठवाड्यांत शियांच्या ल्हारचो अदमास खात्यान उक्तायला.

भारत आयज चिलींतल्या सांतिआगो शारांत नामिबिया आड बायलांच्या एफआयएच हॉकी ज्युनियर वर्ल्ड कप मोहिमेक सुरवात करतलो. भारतीय वेळा प्रमाण सांजवेळा 7:45 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची शक्यताय आसा